# फोंडेंच्या क्रांती मैदानाचेर मुक्ती दीस मनयलो

पणजीः 19 डिसेंबर 2023

फोंडेंच्या क्रांती मैदानाचेर आयज गोंय मुक्ती दीस व्हडा उमेदीन आनी देशभक्तीन मनयलो आनी कृषी मंत्री श्री. रवी नायक हांणी राष्ट्रीय तिरंगो फडकयलो आनी गार्ड ऑफ ऑनराची पळोवणी केली.
भारताच्या स्वातंत्र्यायेच्या 14 वर्सां उपरांत आमच्या राज्याक मुक्ती मेळ्ळी तरी भुगोलीक नदरेन गोंय राज्य ल्हान आसून लेगीत शिक्षणीक, संस्कृतीक, खेळा आनी भलायकी मळांचेर जायत्या वर्सां सावन लक्षणीय उदरगत जाल्या अशें श्री. नायक हांणी उक्तायलें. गोंयचे सर्वांगी उदरगती खातीर केंद्र सरकारान योगदान दिलां, ताका लागून प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या कुशळ फुडारपणां खाला आमकां खूब फायदो जाल्लो आसा. आमच्या देशाचें फुडारपण करूंक लोकांनी आपले हात बळकट करपाचें आवाहन तांणीं केलें.
उदरगतीची सुरवात करूंक सगळ्या समाजांनी एकठांय येवन काम करचें अशीं इत्सा तांणें व्यक्त केली.
जी-20 समीट परिशदेच्या कांय कार्यावळींक येजमानकी दिवंक गोंय राज्याची निवड केल्ले खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांची श्री. नायक हांणी तोखणाय केली, जी राज्याची गिरेस्त संस्कृताय आनी आदरातिथ्य दाखोवपाची संद आशिल्ली. मानादीक प्रधानमंत्र्यांनी जी-20 समीट परिशदेचो नियाळ घेतलो, अशें तांणें सांगलें.
फुडें उलयतना श्री. नायक हांणें म्हणलें की, डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला सरकार लोकांक सुशासन करपाक सातत्यान येत्न करता. शांतताय आनी सांप्रदायेक खातीर लोकांनी सहकार्य करचें आनी एकठांय येवन काम करचें तशेंच राज्याची प्रगती आनी समृद्धी खातीर स्वताक परतून समर्पीत करून घेवचे खातीर आवाहन केलें.
सगळ्या धर्मांतल्या आनी जातींतल्या लोकां मदीं राष्ट्रीय एकचार, सांप्रदायीक सलोखा वाडोवपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार फोंडें नगरपालिकेचे अध्यक्ष श्री. रितेश नायक; फोंडेंचे कमांडिंग ऑफिसर 6 टीटीआर, कर्नल जसविंदर सिंग, एनआरआय आयुक्त नरेंद्र सावयकार, नगरसेवक, झेडपी, सरपंच, सरकारी कर्मचारी, सुटके झुजारी आनी व्हड प्रमाणांत विद्यार्थी लेगीत हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार फोंडेंच्या वेगवेगळ्या विद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांनी सांस्कृतीक कार्यावळी सादर केल्यो.
उपजिल्होधिकारी सुयश खांडेकार आनी उपअधिक्षक आशिष शिरोडकार हांणी कृषी मंत्र्याक येवकार दिलो.
गिरीश वेळगेकार हांणी कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें.

DI/NB/DB/PN/SGN/2023

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.